# गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड वासिनां दिवपाचो कार्यक्रम

ता. 15 मार्च 2022

गोंय सरकाराच्या गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय जनावरां रोग नियंत्रण कार्यक्रमा खाला राज्यांत ता. 15 मार्च 2022 सावन गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड ब्रुसेलोसिस वासिनां दिवपाच्या कार्यक्रमाक सुरवात केल्या आनी हो कार्यक्रम ता. 14 एप्रिल 2022 मेरेन चलतलो.

ह्या कार्यक्रमाखाला गायों आनी म्हशींच्या 4 ते 8 म्हयन्यांच्या पिराय गटातल्या सगळ्यां पाडकांक वासिनां दिवपाचो प्रयत्न आसतलो. रस्त्यार भोवपी जनावरांच्याय पाडकांक वासिन दितले. जनावरांची रोगप्रतिकार शक्त तपासपा खातीर वासिनां दिले उपरांत सेरा सॅम्पल घेतले. वासिनां केल्ल्या सगळ्या जनावरांची वळख दवरपा खातीर तांच्या कानाक बिल्लो लावप आवश्यक आसा.

गायों आनी म्हशींच्या सगळ्यां पाडकांक वासिनां दिवन ब्रुसेला रोगाचे निर्मूलन करपा खातीर दूदकार शेतकारांनी वासिनां करपाक येवपी खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करपाची विनंती केल्या. ब्रुसेला हो जनावरांक जावपी संसर्गीक रोग आसा आनी ह्या रोगाक लागून जनावरांची वाड, प्रजनन आनी दुद उत्पादनाचेर परिणाम जाता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/171

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji